**लायब्ररी आनी इन्फॉर्मेशन सायन्स प्रमाणपत्र अभ्यासक्रम प्रवेश**

ता. 23 एप्रिल 2022

फार्मागुडी- फोंडेच्या भाऊसाहेब बांदोडकर तांत्रिक शिक्षण संकुलावतीन कळीत केला की, लायब्ररी आनी माहिती विज्ञान ह्या 6 म्हयन्याच्या प्रमाणपत्र अभ्यासक्रमाच्या चौथ्या बॅचीक 2 मे 2022 सावन गोंय अभियांत्रिकी म्हाविद्यालयात सुरूवात जातली. हो अभ्यासक्रम स म्हयन्यांचो आसून जातूंत नामांकीत अशां लायब्ररीमदल्या 45 दिसांच्या इंटर्नशिपसचो आस्पाव आसा.

शाळांची ग्रंथालयां, भौशीक ग्रंथालयां (ग्रेड I आनी ग्रेड II ग्रंथपाल) आनी हेर शिक्षणिक/वेवसायिक ग्रंथालयांनी नोकरी करपाक इत्सुक आशिल्ल्या खातीर हो अभ्यासक्रम अनिवार्य आसा. अभ्यासक्रमा खातीर फकत 60 उमेदवारांक पयली येवप्यांक पयली ह्या तत्त्वाचेर प्रवेश दितले. ग्रंथालयांनी नोकरी करपी उमेदवारांक प्राधान्य दितले. अर्जदाराची पात्रताय खंयच्याय शाखेतल्यान कमीत कमी बारावी उत्तीर्ण आसपाक जाय.

अर्ज आनी प्रॉस्पेक्टस 21 एप्रील 2022 सावन महाविद्यालयाच्या ग्रंथालयात उपलब्ध आसात. चड म्हायती खातीर अभ्यासक्रम को-ऑर्डिनेटर श्रीमती स्मिता अरुण देसाई हांचे कडेन 9975167416/08322336391/392/393. ह्या फोन नंबरावयल्यान संपर्क करपाक शकता.
म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/288

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji